# <u>राज्यपालान हुतात्म्यांक आर्गां ओपली</u>

ता. 31 जानेवारी 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पणजेच्या आझाद मैदाना वयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

मुखेल सचिव श्री. परिमल राय, पुलीस म्हासंचालक डॉ. इंद्रदेव शुक्ला, पुलीस म्हानिरीक्षक श्री. राजेश कुमार आनी पुलीस उपम्हानिरीक्षक श्री. परमादित्य हांणीय हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

पुलीस पंगडान शस्त्र सलामी दिली आनी पुलीस बॅण्ड पंगडान लास्ट पोस्टची धुन वाजयली.

प्रधान सचीव (वित्त) श्री. पुनीत कुमार गोयल, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्री. अजीत रॉय, सरकारी सचीव आनी वरिश्ट पुलीस अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/84

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji